# राज्यपालाकडल्यान गुरू नानक जयंतीनिमतान परबीं

ता. 07 नोव्हेंबर 2022

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गुरू नानक देवजींच्या जयंतीनिमतान गोंयच्या लोकांक आनी खास करून शीख बांधवांक काळजासावन उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, "गुरु नानक देवजी हे एक म्हान रूशी, संत आनी योगी आशिल्लें, जांणी जगाक अध्यात्म, मानवता, नैतिकता, भक्ती आनी सत्य ह्या शाश्वत मूल्यांचे सखोल ज्ञान दिले. वासना, लोभ, आसक्ती, राग आनी गर्व ह्या पाच दुर्गुणांचेर मात करपाचो तांचो उपदेश सध्याच्या वायट प्रवृत्तींनी पिडील्ल्या जगाखातीर खुप म्हत्वाचो आसा. तांच्या उपदेशांक लागून आमका आमच्या देशाची एकता आनी धर्मनिरपेक्ष भावना सांबाळून दवरपाक मदत जाल्या."

"गुरु नानक जयंतीनिमतान आमी तांच्या मोलादीक शिकवणींचे पालन करपाखातीर कटीबद्द जावया जेणे करून आमी शांतीकाय आनी सलोख्यान जगतले", अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/686

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji